Panaji national

18.06.2026

@ 8.40 AM

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू  आज  सावन मध्य प्रदेशच्या पाच दिसांच्या दौऱ्यार वतात.
- फ्रान्स दौऱ्याच्या निमाण्या पांवड्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं पॅरिसाक पावले
- भारत आनी युनायटेड किंगडम हांणी 'सर्वसमावेशक अर्थीक आनी वेपार कबलात (CETA) अंदूं 15 जुलय सावन लागू जातली अशें जाहीर केलां.
- आय सी सी बायल्यांच्या टी 20 क्रिकेटात काल रातीं लीड्सांतल्या हेडिंगली हांगा जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नेदर्लंडसाक पंचाणव  धांवड्यांनी हारयलो

Murmu

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज  सावन मध्य प्रदेशच्या पाच दिसांच्या दौऱ्यार वतात. ती इंदूराक पावतली आणि उपरांत 'ब्रह्मकुमारी' संस्थेन आयोजित केल्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक बैतुल वतली. १९ जूनाक, पश्चिम बंगालातल्या कलाईकुंडा हांगा वचपा आदी राष्ट्रपती 'आंतरराष्ट्रीय सिकलसेल ॲनिमिया दिसा'निमित्त आयोजित कार्यक्रमाक उपस्थित राकतली. २१ जूनाक राष्ट्रपती मुर्मू जबलपूरात 'आंतरराष्ट्रीय योग दिसा'च्या कार्यक्रमात सहभागी जातली आणि राणी दुर्गावती विद्यापीठाच्या छत्तिसव्या दीक्षांत समारंभाक मुखेल सोयरी म्हण हाजिर रावतली .

मोदी

फ्रान्स दौऱ्याच्या निमाण्या पांवड्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं पॅरिसाक पावले. फ्रान्सच्या राजधानींत पावतकच तांच्या हॉटेलांत जमिल्ल्या भारतीय समाजांतल्या लोकांनी तांका उमेदिन येवकार दिलो.पॅरिसांत प्रधानमंत्री मोदी फ्रान्सचे राष्ट्रध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे वांगडा ‘विवाटेक 2026’ कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात. ‘विवाटेक’ ही युरोपांतली सगळ्यांत व्हडली तंत्रज्ञान आनी स्टार्टअप परिशद; हे परिशदेंत प्रधानमंत्री मोदी भारताची वाढती नवोपक्रम पर्यावरण प्रणाली आनी तंत्रीक उदरगतीचेर भर दितले अशी अपेक्षा आसा.

मोदी

हाचे आदीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) विशी सुरक्षीत, समावेशक आनी मानव/केंद्रित दृष्टिकोन स्वीकारपाचे आवाहन केले. एआयचें खरें मोल मशीनांच्या क्षमतेंत नासून, ते सादारण नागरिकांक कितले प्रभावीपणान सक्षम करता हाचेर आसा असो तांणी भर दिलो. एव्हियनांत जाल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत ‘एआयची सुरक्षीत, नेटान आनी कार्यक्षम अंमलबजावणी सुनिश्चीत करप’ ह्या विशयाचेर उलोवप करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें की , एआयत मनशाच्या जिविताच्या दर एका तांसात बदल करपाची तांक आसा. डिजिटल युगांत भुरग्यांची संरक्षण करपाची गरज अधोरेखित करताना ताणी शिटकावणी दिली की एआय शिक्षण आनी सृजनशीलताय वाडोवंक शकता, पूण योग्य सुरक्षा उपाय/योजना ना जाल्यार तरणाट्या वापरप्यांक चुकीची म्हायती, ‘डीपफेक आनी शोशणाक बळी घालुक शकता.

## जी 7

जी-7 फुडाऱ्यांनी संतुलित, शाश्वत  आनी लवचीक उदरगतीक चालना दिवप, गंभीर खनिजांची पुरवण साखळी सुरक्षीत करप आनी अल्पवयीन भुरग्यां खातीर सुरक्षीत डिजिटल सुवात तयार करपाचो हेतू आशिल्लीं तीन म्हत्वाचीं घोशणां स्वीकारलीं; ह्या उपक्रमांक जायत्या भागीदार देशांनीय तेको दिलो. फ्रांसांतल्या एव्हियनांत जाल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत फुडाऱ्यांनी संतुलित आनी लवचीक उदरगती विशीं निवेदन जारी केलें, तातूंत स्थिर उर्जा बाजारपेठ, सुरक्षीत पुरवण साखळी आनी जागतीक अर्थीक संस्थांनी सुदारणा करपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो. हॉर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान सुरक्षीत जहाज येरादारी परतून सुरू करप, मनमानी निर्यात निर्बंध टाळप आनी वाडत वचपी संवसारीक अर्थीक अ/समानताय पयस करप हाचेर तांणी भर दिलो.

## युके

भारत आनी युनायटेड किंगडम हांणी 'सर्वसमावेशक अर्थीक आनी वेपार कबलात (CETA) अंदूं 15 जुलय सावन लागू जातली अशें जाहीर केलां. समाजीक सुरक्षा कबलात - जाका ड्युअल कंट्रिब्यूशन एग्रीमेंट (डीसीसी) अशेंय म्हण्टात - लेगीत त्याच दिसा लागू जातलो अशी म्हायती वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान दिल्या. तशेंच डीसीसी खाला सवलतीचो  कालावधी 3 वर्सां वयल्यान 5 वर्सां मेरेन वाडयला, जो भारतांतल्या तात्पुरत्या कामगारांक एक व्हड जमेची बाजू आसा अशें मंत्रालयान नदरेक हाडलां. ह्या कबलातीक  'आर्थीक मुत्सद्देगिरीचो जैत' अशें वर्णन करतना केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें की , सीईटीए आनी दोट्टी योगदान कबलात एकाच वेळार चालीक लायल्यार भारताच्या निर्याती खातीर म्हत्वाची नवी संद मेळटली; कारण भारताक णव्याणव  टक्के शुल्क श्रेणींर  बेगो/बेग शुल्क मुक्त प्रवेश मेळटलो. हाका लागून कापड, चामडें, दर्या

उत्पादन, अभियांत्रिकी आनी प्रक्रिया केल्लें अन्न ह्या क्षेत्रांक कसलोच गैर/सोयी/शिवाय सर्त करपाक मेळटली आनी संवसारीक पांवड्यावेलीं उत्पादनां पूरवण शक्य जातली अशें तांणी सांगलें.

मोदी

भारत-ब्रिटन व्यापक अर्थीक आनी वेपार कबलातीक लागून भारत आनी युनायटेड किंगडम हांचे मदल्या द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणुकेक व्हड चालना मेळटली अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी नदरेक हाडलें की ह्या कबलाती वरवीं भारतीय शेतकार, कामगार, सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग (एमएसएमई), स्टार्टअप आनी नवनिर्माण करप्यां खातीर जायत्यो संदी उक्त्यो जातल्यो आनी ‘विकसीत भारत दोन हजार सत्तेचाळीस’ हें ध्येय साध्य करपाक म्हत्वाचें योगदान मेळटलें.

भूपेंद्र

पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी सांगले की, निकृष्ट जालली जमीन पुनरुज्जीवित करपाचे सरकारचे प्रयत्न फक्त निसर्गाची सेवा करपापुरते मर्यादित नसून, ते मानवतेचे भविष्य सुरक्षित करपाप्रती आसलेली एक वचनबद्धताय आसा. नवी दिल्लीत 'वाळवंटीकरण आणि दुष्काळ रोखपाच्या जागतिक दिसा'निमित्त आयोजित कार्यक्रमात ते उलयताले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी सव्वीस दशलक्ष हेक्टर निकृष्ट जमीन पुनरुज्जीवित करपाचे उद्दिष्ट निश्चित केला आनी , सरकार हे उद्दिष्ट साध्य करपाक सक्रियपणान काम करता अशे यादव यांनी नमूद केले. शारातल्या हुवार उदकाचे व्यवस्थापन करपाक 'रामसर थळा म्हणलयार पाणथळ सुवाती महत्त्वाची भूमिका निभायतात; तसेच अतिरिक्त उदक साठवण, क्षेत्रांचे 'डार्क झोन' म्हणजे जय भूजल पातळी अत्यंत खालावल्या अशा भागात रूपांतर जावपा पासून रोखप आणि जमिनीची सुपीकता

टिकोवन दवरप हातुनूय ती मदत करतात, अशे मंत्र्यांनी अधोरेखित केले. नैसर्गिक शेतीचे महत्त्व अधोरेखित करताना - विशेषतः 'डार्क झोन' जावपाचो धोका असलेल्या आणि जमिनीचा क्षारपणा वाढत आशीलल्या क्षेत्रांच्या संदर्भात - यादव हाणी म्हणाले की, युरिया आणि रासायनिक खतांच्या अति वापरान एक वाढते संकट निर्माण जाला . हे दीर्घकालीन पर्यावरणीय शाश्वततेबाबतय गंभीर चिंता निर्माण करता अशे त्यांनी सांगले. **Byte**

पदमश्री

सरदार इंदरजित सिंग सिद्धू हे एक माजी भारतीय पोलीस अधिकारी ते पोलीस दलातले निवृत्त उप/महा/निरीक्षक (DIG) असून, चंदीगडात भौशीक सुवातो स्वतःहून स्वच्छ कर पाच्या दीर्घकाळ चलिल्या नागरी स्वच्छता मोहिमे खातीर तांची वळख आसा.तांच्या ह्याच सेवेचा गौरव म्हण अंदु वर्साचो भारताचो सर्वोच्च नागरी समान पदमश्री तांका फाव जाल्या

स्पोर्ट्स 7 0

आय सी सी बाय्ल्यांच्या टी 20 क्रिकेटात काल रातीं लीड्सांतल्या हेडिंगली हांगा जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नेदर्लंडसाक पंचाणव धांवड्यांनी हारयलो भारतान २० षटकांत ५ बाद २०९ धावड्यो केल्यो . स्मृति मांधनाक सामनावीर' घोषित केली

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज ईशान्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी आनी उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगालांत व्हड ते सामके चड पावस पडपाचो 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला. अस्तंत बंगाल, कोंकण, गोंय आनी ओडिशा हान्गाय आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू  आज  सावन मध्य प्रदेशच्या पाच दिसांच्या दौऱ्यार वतात.
- फ्रान्स दौऱ्याच्या निमाण्या पांवड्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं पॅरिसाक पावले
- भारत आनी युनायटेड किंगडम हांणी 'सर्वसमावेशक अर्थीक आनी वेपार कबलात (CETA) अंदूं 15 जुलय सावन लागू जातली अशें जाहीर केलां.
- आय सी सी बायल्यांच्या टी 20 क्रिकेटात काल रातीं लीड्सांतल्या हेडिंगली हांगा जाल्ल्या अ गटांतल्या मॅचींत भारतान नेदर्लंडसाक पंचाणव  धांवड्यांनी हारयलो